राजश्री कामत  प्रदेशीक खबरो  07.10.2025 @ 7.20 pm

9-12 october ह्या काळात जावपी international festival क 25-30 देशातले सुमार 15 हजार प्रतीनीधी वाटो घेवपाचे आसात अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या

भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी रशियेंत जाल्ले बायोप्रोम 2025 परिशदेंत गोंयचे  भलायकी मॉडेलाचे सादरीकरण केलें.

ईडीसी लिमिटेड, अहमदाबाद हांगा EDII च्या सहकार्यान ८ ते १० ऑक्टोबर मजगती  ईडीसी हाऊस, पणजी हांगा उद्योजकता विकास कार्यक्रम (ईडीपी) आयोजित करता.

गोंयच्या पर्ल फर्नांडिस आनी व्हॅलेना फर्नांडीस हांणी 17 वर्सां सकयल्या बायलांच्या आशिया कप पात्रताय सर्ती खातीर भारतीय पंगडांत आपली सुवात कायम राखल्या

रश्मि 230

9-12 october ह्या काळात जावपी international festival क 25-30 देशातले सुमार 15 हजार प्रतीनीधी वाटो घेवपाचे आसात अशी म्हायती गोंय दिव्याग सक्षमीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. ह्या फेस्टाचे 90% काम पुराय जाला. दील्ली आयआयटीच्या जोडपालवान ह्या फेस्टीवला खातीर विशेश ॲप तशेंच हेर तंत्रीक सुविधा उपलब्ध केला. BYTE इंडोर

ह्या महोत्सवात केंद्रीय मंत्री विरेंद्र कुमार,रामदास आठवले, united nation चे अध्यक्ष shambi shark , मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, हाजीर रावतले. ह्या महोत्सवा वेळार 2 हजार दीव्यांग व्यक्तींक तांका लागपी यंत्रणाचे वाटप करतले. हे शिवाय एकाच वेळार 65 चांचण्यो करपी माखना वरवी दीव्यांग व्यक्तींची शारीरीक चांचणी जातली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दील्या. गोयांत सुमार

80-90 हजार दीव्यांग व्यक्ती आसात, हांतुल्ले 35 हजार दीव्यांग व्यक्ती नोंदणीकृत आसात.बेगिनच राज्यातल्या दीव्यांग व्यक्तीचो सर्वे सुरू करतले. तालुका पांवड्यार ही आकडेवारी स्पश्ट जातकुच अशा व्यकींक लागपी सुवीधा, उपकरणा गरजुंक दीतले. हे शिवाय तिंच्या रोजगाराचो प्रस्न लेगीत सरकार सुटावो करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री सुभाष फळदेसाय हांनी दील्या. ह्या फेस्टाखातीर 14 कोटी रूपया खर्च जावपाचो अदमास तांणी ह्यावेळार दीला. महोत्सवात 21 तऱ्हेच्या disablity चेर तज्ञ मनशांच्यो 25 परीशदो जातल्यो.हांतुन दीव्यांग व्यक्तीच्या सक्षमीकरणाखातीर धोरण आखपाचो मसुदो तयार जातलो अशी म्हायती तांणी दील्या. Byte परपल

मजगती मिरामार दर्यादेगेर दिव्यांगा खातीर  अनुकूल नवीन बोर्डवॉक केला. हे विशी मंत्री सुभाष फळदेसाई हांणी म्हणले की, या उपक्रमाक लागुन तांका हेरा भशेन दर्या देगेर भोवपाची खोस घेवंक मेळटली  आणि आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्ट २०२५त सहभागी जावपी प्रतिनिधी खातीर हे एक प्रमुख वैशिष्ट्य आसतले.

MAHESH 150

भलायकी मळार गोंयान व्हड झेप  घेतल्या. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी रशियेंत जाल्ले बायोप्रोम 2025 परिशदेंत गोंयचे  भलायकी मॉडेलाचे सादरीकरण केलें. हे परिशदेंत रशियाचे वेगवेगळे मंत्री तशेंच ब्रिक्स राश्ट्रांचे भलायकी मंत्री हाजीर आशिल्ले. सादरीकरणा उपरांत मंत्री राणे हांणी सोशल मिडियाचेर रशियेंत जावपी बायोप्रोम 2025 परिशदेंत भलायकी सेवे खातीर गोंय मॉडेल सादर करपाचें सौभाग्य आपणाक मेळ्ळां अशें म्हणले. गोंय राज्य भारताचें फुडारपण कशें करता आनी भलायकी सेवेतले नावीन्य आनी समते खातीर संवसारीक मान्यताय कशी मेळता तें दाखोवपाची संद मेळ्ळी. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मार्गदर्शनान प्रेरित हो उपक्रम प्रेरीत आसा अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें. दरेक व्यक्ती खातीर परवडपी आनी सुलभ भलायकी सेवा प्रत्यक्षात हाडप हें आमचें सपन. ‘एक धर्तरी, एक भलायकी’ ही जागतीक संकल्पना आमी आपणायल्या अशे ताणी म्हणले. गोंयचें

भलायकी सेवा मॉडेल फकत भारता खातीर न्हय तर संवसारा खातीरय आदर्श, समतापूर्ण, समावेशक आनी नावीन्यपूर्ण आसा. गोवा हे भारतातले पयले राज्य ज्याने नावीन्यपूर्ण जीवनरक्षक उपचारांखातीर किंमत धोरण लागू केला अशे राणे हानी सांगले

प्रसाद 60

बोरीच्या स्वामी विवेकानंद कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एनएसएस युनिटान, आयुर्वेदिक मेडिकल कॉलेज आनी रिसर्च सेंटर, शिरोडा - आरोग्य धाम हांच्या सहकार्यान आयुर्वेदिक वैजकी शिबिर घडोवन हाडलें. स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसाक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयाचे प्राचार्य अच्युत पेडनेकर हांचे वांगडा आयुर्वेदीक वैजकी म्हाविद्यालयांतल्या मानेस्तांच्या हाजिरेंत ह्या शिबिराचें उक्तावण जालें. शिबिरा खातीर हाजीर आशिल्ल्या वैजकी पंगडांत डॉ.किरण कौशिक, डॉ.श्रीकृष्ण गवठणकर आनी डॉ.आदित्य सामंत हांचो आस्पाव आशिल्लो.

**डेस्क 90**

ईडीसी लिमिटेड, अहमदाबाद हांगा एंटरप्रेन्योरशिप डेव्हलपमेंट इन्स्टिट्यूट ऑफ इंडिया ( EDII) च्या सहकार्यान ८ ते १० ऑक्टोबर २०२५ मजगती नालंदा हॉल, ५ वो माळो , ईडीसी हाऊस, पणजी हांगा उद्योजकता विकास कार्यक्रम (ईडीपी) आयोजित करता. तीन दिसांच्या या उपक्रमाचे उद्दिष्ट सहभागींक वित्तीय व्यवस्थापन, डिजिटल मार्केटिंग, ब्रँडिंग आणि सरकारी योजना हाचेर लक्ष केंद्रित करून, महत्त्वपूर्ण उद्योजकीय कुशळतायेन सुसज्ज करप आसा हातुंत शाश्वत व्यवसाय पद्धती आणि वाढीच्या संधी निर्माण करपाचेरूय भर दिता. ह्या उपक्रम अंतर्गत, ₹७,५०० अधिक जीएसटी कार्यक्रम शुल्क ईडीसी, गोवा वरवी ९०% अनुदानित आसतले. हे प्रशिक्षण विद्यार्थी आणि ईडीसी रीण घेतिल्याक मोफत आसा.

dip 90

भारतीय पोलीस कायदो ,१८६१ च्या कलम २६ अंतर्गत दक्षिण गोय जिल्हा दंडाधिकाऱ्यांनी फातोर्डा वठरात येरादारी विभागाच्या हद्दीत दीर्घकाळ पडून अशील्या, सोडून दिल्या वाहनासंबंधी दावे सांगपाक इच्छुक सगल्या व्यक्तींक, कागदोपत्री पुराव्यांसयत आपले दावे घोषणेच्या प्रकाशन तारखेपासून स महिन्यां भीतर उपजिल्हाधिकारी आणि उपविभागीय दंडाधिकारी - १, मडगाव यांच्या कार्यालयात सादर करपाचे आवाहन केला. जर निर्धारित कालावधीत अशा बेवारस वाहनाविषयी कसलेय आक्षेप/दावे प्राप्त जालेना, तर वाहना राज्य सरकार आपल्या ताब्यात घेतलो आणि भौशीक लिलावा वरवी त्यांची विल्हेवाट लायतले. दीर्घकाळ पडून असलेल्या वाहनांची वलेरी उपजिल्हाधिकारी आणि उपविभागीय दंडाधिकारी -१, मडगाव यांच्या कार्यालयात उपलब्ध आसा .

**NCPOR 70**

पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाच्या अंतर्गत येवपी राष्ट्रीय ध्रुवीय आणि महासागर संशोधन केंद्र (NCPOR) न आज मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळा वेल्यान अंटार्क्टिकाक वचपी ईतिहासिक थेट हवाय मालवाहू उड्डाणाक एनसीपीओआरचे संचालक डॉ. थंबन मेलोथ हानी पाचवो बावटो दाखयलो. DROMLAN-चलित IL-76 विमानाचो वापर करून या मोहिमेत वैज्ञानिक उपकरणां,वरदां आणि अंटार्क्टिकामधले भारतीय संशोधन केंद्रां खातीर वार्षिक तरतुदीं सयत १८ टन आवश्यक साहित्य व्हरतात. दक्षिण आफ्रिकेतल्या केपटाऊन या प्रवेशद्वारातल्यान वचपी ही अग्रगण्य शिपमेंट भारताच्या ध्रुवीय मोहिमां खातीर लॉजिस्टिक कार्यक्षमता वाडोवपाच्या दृष्टीन एक महत्त्वपूर्ण पाऊल आसा.

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप

गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 **oct** आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

वाल्मिकी 60

आज देशाच्या वेगवेगळ्या भागात वाल्मिकी जयंती मनयतात. रामायणाचे लेखक महर्षी वाल्मिकी हांची ही जयंती. महर्षी वाल्मिकीक 'आदि कवी' किंवा संस्कृत भाषेचे पयले कवी म्हणूनय पूज्य मानतात. वाल्मिकी पंथाचे सदस्य तांका देवाचो दूत म्हणूनय आदर करतात आणि जयंती व्हडा भक्तीन मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा यांनी आदिकवि महर्षी वाल्मिकी यांच्या जयंतीनिमित्त शुभेच्छा दिल्या.

स्पोर्ट्स 70

गोंयच्या पर्ल फर्नांडिस आनी व्हॅलेना फर्नांडीस हांणी 17 वर्सां सकयल्या बायलांच्या आशिया कप पात्रताय सर्ती खातीर भारतीय पंगडांत आपली सुवात कायम राखल्या. 13 ते 17 ऑक्टोबर मेरेन किर्गिस्तानांतल्या बिश्केक शारांत जावपी सर्ती खातीर मुखेल प्रशिक्षक जोआकिम अलेक्झांडरसनान 23 वांगड्यांचो पंगड जाहीर केला.यजमान किर्गिझ रिपब्लीक आनी उझबेकिस्तान हे हेर पंगड, जाचे आड अनुक्रमान 13 आनी 17 ऑक्टोबराक मॅची खेळटले. ह्या गटाचो विजेतो फुडल्या वर्सा चीनांत जावपी आशिया कपा खातीर पात्र थारतलो.

तापमान 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.3 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता